**1115 कंत्राटी कामगारांची भौशीक बांदकाम खात्याच्या कामगांर पुरवण सोसायटीखाला नोंदणी**

ता. 15 जून 2020

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज भौशीक बांदकाम खात्याच्या कामगांर पुरवण सोसायटीखाला नोंदणी जाल्ल्या 1115 कंत्राटी कामगारांक नेमणूक/नोंदणी पत्रां भेटयली. कंत्राटदार वा कंत्राट कंपनीखाला काम करपी कामगारांची आतां भौशीक बांदकाम खात्याच्या कामगार पुरवण सोसायटीखाला नोंदणी जाल्या.

आयज पर्वरी सचीवालयात जाल्ल्या कार्यक्रमाक भौशीक बांदकाममंत्री श्री. दीपक पावसकार, प्रभारी मुख्य सचीव श्री. पुनीत कुमार गोयल, भौशीक बांदकाम खात्याचे प्रधान मुख्य सचीव श्री. उत्तम पार्सेकार आनी हेर अधिकारी हजर आशिल्ले.

भौशीक बांदकाम खात्याखातीर काम करपी कंत्राटी कामगारांचो पगार, सेवा आनी हेर समस्यां लक्षांत घेवन सरकारान तांची भौशीक बांदकाम खात्याच्या कामगार पुरवण सोसायटीखाला नोंदणी करपाचो निर्णय घेतला. कोवीड-19 सारख्या महामारीच्या काळात लोकांक बरी सेवा मेळची आनी अशां कामगारांचेय प्रस्न सुटावे जावचे हो ह्या निर्णया फाटलो उद्देश आसा, अशें मुख्यमंत्र्यान ह्या वेळार उलयतना सांगलें.

सरकारान 31 मार्च 2020 सावन कंत्राटी पद्दत रद्द करून कंत्राटदार वा कंत्राट कंपनीखाला भौशीक बांदकाम खात्यात फाटली 10 ते 12 वर्सा काम करपी कामगारांची भौशीक बांदकाम खात्याच्या कामगार पुरवण सोसायटीखाला नोंदणी जाल्या. ह्या कामगारांक आतां रजा आनी वैजकीय सुविधांचो लाभ मेळटलो.

ह्या कामगारांमदी 458 कुशळ, 378 अर्दकुशळ, 268 कुशळ कामगांर आनी 11 कुशळ ड्रायव्हरांचो आसपाव आसा.

कामगारांची आतां भौशीक बांदकाम खात्याच्या कामगार पुरवण सोसायटीखाला नोंदणी जाल्ल्यान सरकाराचे वर्साक सुमार 7 कोटी रूपया वाचतले. कोवीड-19 सारख्या महामारीच्या काळात लोकांची सेवा करपी भलायकी कर्मचऱ्यांचो आमी सन्मान करपाची गरज आसा. कोवीड दुयेंतींचो आकडो वाडत आशिल्ल्यान कोवीड केअर सेंटरां सुरू करपात येता आनी गरज पडली जाल्या प्रत्येक तालुक्यात कोवीड केअर सेंटर स्थापन करपात येतले, अशेंय मुख्यमंत्र्यान ह्या वेळार सांगलें.

भौशीक बांदकाममंत्री श्री. दीपक पावसकार हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/303

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA